Panaji National 16th February 2025

- भारत फक्त संवसारीक भविष्याबद्दलच्या चर्चेच्या केंद्रस्थानी ना, पूण ह्या चर्चांचें फुडारपणूय करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.
- परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी  म्यूनिकांत नॉर्वेचे अर्थमंत्री आनी म्यूनिक सुरक्षा मंडळाचे नवे नेमिल्ले अध्यक्ष जेन्स स्टोल्टनबर्ग हांची भेट घेतली.
- नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशनाचेर काल सांजवेळा  जाल्ल्या चेंगराचेंगरीत  15 जाणांक मरण आयलें आनी जायते जाण जखमी जाले.
- बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत काल रातीं वडोदरात जाल्ले मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्सान मुंबय इंडियन्साक दोन विकेटींनी हारयलो.

--------------------------------

PM Summit

भारत फक्त संवसारीक भविष्याबद्दलच्या चर्चेच्या केंद्रस्थानी ना, पूण ह्या चर्चांचें फुडारपणूय करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल सांगलें. दिल्लींत एका मिडिया हाऊसान आयोजीत केल्ल्या शिखर सभेंत उलयतना मोदी हांणी सांगलें, भारतान संवसारीक पांवड्यार अशी सुवात मेळयल्या, जी ताका पयली केन्नाच मेळूंक नाशिल्ली. भारताचेर आशिल्लो विस्वास पयलीं परस चड बळिश्ट आसा, मागीर तो मुखेल राश्ट्र आसूं वा जागतीक मंच आसूं, अशें तांणी नमूद केले.

भारत 2014 वर्सा सावन नेटान उदरगतीच्या मार्गाचेर आसा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी स्पश्ट केलें. फकत एका दशकांत भारत संवसारांतल्या पयल्या पाच प्रमुख अर्थव्यवस्थांपैकी एक जालां अशें तांणी नदरेक हाडलें. येत्या काळात भारत तिसरी सगळ्यांत व्हड अर्थव्यवस्था जातली असो विश्वास मोदीं हाणी उक्तायलो. तशेंच आपल्या सरकारान वेवसायाच्या भंयाचें रुपांतर वेवसाय करपाच्या सोंपेंपणांत केलां अशें तांणी अधोरेखित केले. विकसित भारत जावपाच्या भारताच्या प्रवासात तांचे सरकार खाजगी क्षेत्राक एक प्रमुख भागीदार म्हणून पळयता अशे मोदी हाणी सांगले.

--------------------------------

जयशंकर

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी  म्यूनिकांत नॉर्वेचे अर्थमंत्री आनी म्यूनिक सुरक्षा मंडळाचे नवे नेमिल्ले अध्यक्ष जेन्स स्टोल्टनबर्ग हांची भेट घेतली आनी जागतीक सुरक्षा वेवस्थेचे उदरगतीचेर तांणी फळादीक चर्चा केली तशेंच म्यूनिक सुरक्षा परिशदेच्या निमित्तान  डॉ.जयशंकर हांणी आर्जेन्टिनाचे परराश्ट्र आनी वेपार मंत्री जेरार्डो वेर्थेन हांचीय भेट घेतली.  सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत परराश्ट्र मंत्र्यान भारत-आर्जेन्टिना वेपार आनी गुंतवणूक आनीक वाडोवपा विशीं चर्चा केल्या अशें सांगलां.

---------------------------------
President
नवनिर्माण करप्यांनी आनी उद्देजकांनी पारंपारीक समाजाच्या गिन्यानाच्या आदाराचेर दुर्लक्ष करचें न्हय अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. ल्हान प्रमाणांतल्या पारंपारीक उपायांचें म्हत्व विसरूंक नाकात असो सल्लो राष्ट्रपतींनी तरणाट्यांक दिलो. काल रांचींत बिर्ला इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी मेसराच्या प्लॅटिनम महोत्सवांत उलयतना राष्ट्रपतीनि 'विकसीत भारत' उबारपाक तरणाट्यांची उमेद आनी वचनबद्धताय म्हत्वाची भुमिका साकारतली अशें स्पश्ट केलें.

बायलां सशक्तीकरणा विशीं राष्ट्रपतीनि सांगलें, विज्ञान, अभियांत्रिकी, तंत्रगिन्यान आनी गणित ह्या मळार चलयो फाटीं नात. शिक्षण आनी नवनिर्माणांत 70 वर्सां उत्कृश्ट कामगिरी पुराय केल्ल्या बीआयटी मेसराच्या गिरेस्त दायजा विषयी राष्ट्रपतीनि अभिमान उक्तायलो. झारखंडाचे राज्यपाल संतोष कुमार गंगवार हांणी कार्यावळीक संबोधीत करतना सांगलें, नव्या भारतांत शिक्षणाच्या मळार चलयो चल्यां परस बरे काम करतात.

---------------------------------
Delhi
नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशनाचेर काल सांजवेळा जाल्ल्या चेंगराचेंगरीत 15 जाणांक मरण आयलें आनी जायते जाण जखमी जाले अशें अधिकाऱ्यांनी सांगलें. जखमींक उपचारा खातीर हॉस्पिटलांत दाखल केल्ल्याची म्हायती केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी दिली. अचकीत प्रवाशांची गर्दी जाल्ल्यान ही घडणूक घडल्या अशें सांगून हे घडणुकेची उंचेल्या पांवड्यावेली चवकशी करपाचो आदेश दिला अशें तांणी सांगलें. आतां परिस्थिती नियंत्रणांत आसा अशें तांणी सांगलें.

गर्दी उणी करपाखातीर प्रयागराजातल्या महाकुंभाखातीर तात्काळ चार विशेष गाडयो रवाना केल्यो आणि परिस्थिती नियंत्रणात हादली. गर्दी व्यवस्थापनात मदत करपाखातीर आणि मदत उपाययोजनांचेर नियंत्रण दवरपाखातीर राष्ट्रीय आपत्ती प्रतिसाद दलाची एक टीम सुद्धा तैनात केल्ली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय हे घडणुकेचेर दुख्ख उक्तायलें. ह्या अपघाता संबंदी वैष्णव, दिल्लीचे नायब राज्यपाल व्हीके सक्सेना आनी हेर संबंदीत अधिकाऱ्यां कडेन उलयिल्ल्याचें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलें. सगळ्यांक शक्य तितली मजत करपाचे निर्देश दिल्यात अशे शाह हाणी सांगलें. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी दुख्ख उक्तायलें. दिल्लीचे नायब राज्यपाल व्ही.के. सक्सेना हाणी हॉस्पिटलांत भेट दिवन जखमीं खातीरच्या सुविधाचो नियाळ घेतली.

---------------------------------
PM Bharat tex
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत जावपी इंडिया टॅक्स 2025त हाजीर रावपाचे आसात. मोदी ह्या वेळार उपस्थितांक संबोधीत करतले. भारत टॅक्स 2025 ही एक व्हडली

जागतीक कार्यावळ. 14 फेब्रुवारीक सुरू जाल्ली ही कार्यावळ 17 फेब्रुवारी मेरेन चलतली. ह्या कार्यावळींत कच्चो माल, तयार केल्लीं उत्पादनां आनी सहायक उपकरनांची पुराय टेक्सटाइल मोल साखळी एकाच सुवातेर उपलब्ध आसा.

---------------------------------

Waves

बर्लिन चित्रपट महोत्सव 2025 त काल वेव्हज 2025 खातिरचो आऊटरिच कार्यक्रम आयोजित केल्लो. ह्या वेळार भारतीय शिष्टमंडळान युरोपियन चित्रपट बाजारपेठेत आघाडीचेर आशिल्ल्या जगभरातल्या प्रमुख चित्रपट निर्मात्यां बरोबर विचार विनिमय केलो. हे सत्र म्हणजे भारताचो प्राचीन वारसो आणि आधुनिक तंत्रज्ञानविषयक प्रगतीचे अनोखे मिश्रण प्रदर्शित करपाखातीरचो मंच ठरलो.

बर्लिन फिल्म फेस्टिवलांतल्या फिल्म उद्देगाच्या फुडाऱ्यांक WAVES 2025 शिखर सभेंत वांटो घेवपाक आमंत्रित केल्यात. बर्लिनेलात जाल्ल्या एका कार्यावळींत उलयतना नामनेचे दिग्दर्शक आनी अभिनेतो शेखर कपूर हांणी भारतीय मनरिजवण उद्देगाची अफाट क्षमता अधोरेखित करपी एक प्रेरणादायक भाशण केलें. भारताच्या नेटान वाडपी AVGC-XR (एनिमेशन, व्हिज्युअल इफेक्ट्स, गेमिंग, कॉमिक्स आनी ऑगमेंटेड रियलिटी) क्षेत्रा वांगडा सहकार्य करपाची वेव्स कार्यावळ ही एक बरी संद आसा अशें तांणी सांगलें.

---------------------------------

Nadda

भाजपाचे अध्यक्ष जेपी नड्डा हांणी काल दिल्लींतल्या भाजपाच्या मुख्यालयात पक्षाच्या सरचिटणीसांची बसका घेतली. हे बसकेंत पक्षाचे सरचिटणीस बी.एल.संतोष, विनोद तावडे, तरुण चुघ आनी हेर हाजीर आशिल्ले.

---------------------------------

Kashi Tamil

तमिळनाडू आनी काशी हांचे मदल्या सांस्कृतीक आनी बौध्दिक संबंदांक चालना दिवपा खातीर आयोजीत केल्ल्या काशी तमिळ संगमाची तिसरी आवृत्ती काल वाराणसींत सुरू जाली. केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान, म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री एल. मुरुगान आनी उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी ह्या प्रतिश्ठीत सांस्कृतीक महोत्सवाचें उक्तावण केलें. शिक्षण मंत्रालयान वेगवेगळ्या मंत्रालयां आनी उत्तर प्रदेश सरकाराच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या उपक्रमाचे उद्दिष्ट तमिळनाडू आनी काशी हांचे मदले पुर्विल्ले संस्कृतीक बंधन घटमूट करप हे आसा.

---------------------------------

ISL

इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तींत  काल सांजवेळार कोचींत मोहन बागान सुपर जायंटान केरळ ब्लास्टर्स एफसीचेर ३-० अशे घसघशीत  जैत मेळयलें. ह्या जैताक लागून 21 खेळांतल्यान 49 गूण मेळोवन ते गुणतालिकेत पयल्या क्रमांकाचेर आसा  आनी एक खेळ उणो खेळपी एफसी गोंय परस 10 गूण फुडें आसात.

ह्या दिसाच्या आनीक एका मॅचींत चेन्नयच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमाचेर चेन्नय एफसीन पंजाब एफसीक 2-1 अशे हारयलो.

आयज कोलकातांांत विवेकानंद युवा भारती क्रीडांगनात Mohammedan SC  ईस्ट बंगाल एफसी आड खेळटलो. ही मॅच सांजवेळा 7.30 वरांचेर सुरू जातली.

---------------------------------

WPL

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत काल रातीं वडोदरात जाल्ले मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्सान मुंबय इंडियन्साक दोन विकेटींनी हारयलो. पयली फलंदाजी करून मुंबय इंडियन्सान दिल्ली कॅपिटल्स खातीर 165 धांवड्यांचें लक्ष्य थारायलें. दिल्ली कॅपिटल्सान निर्धारित 20 ओव्हरींनी लक्ष्य साध्य केलें.

आयज सांजवेळार वडोदरात गुजरात जायंटस आनी युपी वॉरियर्स हांचे मदीं सामनोखेळ जातलो. ही मॅच सांजवेळा 7.30 सुरु जातली.

---------------------------------

Chattisgarh

छत्तीसगडांत जाल्ले शारी संस्थाच्या वेंचणुकेंत 173 शारी संस्थां पैकी भारतीय जनता पार्टी 126 आनी कॉँग्रेस 39 संस्थांनी जैतिवंत जाल्या.

राज्यांतल्या सगल्या धा नगरपालिकांनी महापौरपदाखातीर भारतीय जनता पक्षाचे उमेदवार वेचून आयल्यात.

वट्ट 49 नगरपालिकांतल्यान 35 नगरपालिकांनी भाजपाचे उमेदवार अध्यक्षपदाचेर वेंचून आयल्यात. आठ नगरपालिकांनी कॉँग्रेस, एक पालिकेंत आम आदमी पार्टी आनी पांच नगरपालिकांनी अपक्ष उमेदवारांनी जैत मेळयलां.

ते भायर 114 नगर पंचायतींतल्यान 81 पंचायतींतल्यान भाजपाक जैत मेळ्ळां, जाल्यार 22 पंचायतींत कॉँग्रेसीक जैत मेळ्ळां.हाचे भायर 01 नगर पंचायतींत बहुजन समाज पक्षाचे उमेदवार आनी 10 नगर पंचायतींनी अपक्ष उमेदवार अध्यक्ष म्हणून वेंचून आयल्यात.

---------------------------------